Panaji Regional 22nd February 2026 7.25am

MKB – 70
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 131वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

CM – 130
सत्तरी म्हालातल्या धावे आनी सावर्डे वाठाराक जोडपी दोन पदरी पुलाच्या बांधकामाचो बुनयादी फातर काल मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी बसयलो. गोंय साधन सुविदा उदरगत म्हामडलावरवी 29.93 कोटी रुपया खर्च करुन ह्या पुलाचे काम जातले .

जाल्यार पुलाक लागुन 7-8 किलो मीटराचे अंतर उणे जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार दिली. फुडल्या 100 वर्साच्या उदरगतीचो अभ्यास आनी विचार करुन हो पुल सरकार बांधता. ह्या पुलाक एल.ई.डी लायटींग आसतले अशें मुखेलमंत्र्यान सांगले.
भाजपाचे सरकारा गोंयच्या उदरगतीखातीर काम करता, ताचोच एक प्रत्यय म्हणल्यार सावर्डे पुलाचे बांधकाम अशे ह्यावेळार उलयतना भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. ह्यावेळार सत्तरीची आमदार डॉ. देविया राणे, तशेचं थलावे पंच वांगडी, तशेचं जिल्हो पंचायत वांगडी आनी थलावे नागरीक व्हडा आकड्यान हाजीर आशिल्ले.

CEC – 140

राज्यांतल्या मतदारांची विशेश खोलायेन फेरतपासणी जाले उपरांत १ लाख २७ हजार ४६८ मतदारांचीं नांवां वगळल्या. राज्यांत आतां एसआयआर मोहिमे उपरांत मतदार वळेरेंत एकूण १०,५७,५६६ धा लाख सत्तावन हजार पाचशे सासष्ट मतदारांचीं नांवां आसात. नव्या वळेरे प्रमाण ५,११,४३६ दादले. ५,४६,१२१ बायलो आनी ९ तृतीयपंथी मतदार आसात. ही वळेरी काल सावन सगळ्या मतदान केंद्रांचेर आनी वेंचणूक नोंदणी अधिकारी कार्यालयांत लोकांखातीर उपलब्ध आसा. जी नावा काडल्या ते विशीं कितेंय आक्षेप आसल्यार फुडल्या १५ दिसांनी जिल्लोधिकारी कार्यालयांत अर्ज करपाक मेळटले अशी म्हायती मुखेल वेचणुक अधिकारी संजय गोयल हांणी दील्या. शेनवारा पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. Bytes

राज्यांत १६ हजार ७२१ जाणां कडेन पुर्तुगेज पासपोर्ट आसात. हातुंतल्या ४२८ जाणांचीं नांवां मसुदो वळेरेंत आयिल्लीं. हातुंतल्या ४२० जाणांचीं नांवां काडल्यां. हेर ८ जाणांचीं नांवां बेगीनूच काडटले.

इतले मजगती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एगना क्लिटस हांणी काल एसआयआर प्रक्रिये उपरांत दक्षिण गोंयांतल्या मतदारांची निमाणी वळेरी राजकी पक्षांच्या प्रतिनिधींक दिली.

Maritime – 50

गोंय सागरी परिषदेच्या पाचव्या आवृत्तीचो काल नेव्हल वॉर कॉलेजीत समारोप जालो. नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के. त्रिपाठी हाणी हिंद महासागर क्षेत्रात तंत्रज्ञानाचेर आधारित सागरी सहकार्य घटमुट करपाचे आवाहन केले. के. त्रिपाठी हाणी कोमोरोस, केनिया, मालदीव आणि सेशेल्स संयत चौदा सहभागी देशांच्या प्रतिनिधींचे तांच्या सक्रिय सहभागाबद्दल उपकार मानले.

Weather – 50
शेनवारा पणजेत चडांत चड तापमान 35.9°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23.4°C इतले नोंद जाला. वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 35-36°C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २२-२३°C आसपाची शक्यताय आसा.

T20 – 30
ICC T20 संसारिक करंड वस्तादपण सर्तींत भारत आज अहमदाबादत नरेंद्र मोदी स्टेडियमात दक्षिण आफ्रिके आड सुपर ८ मोहिमेची सुरुवात करतलो. मॅच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली.